## विशेश भुरग्यांच्या शाळेच्या खेळांमेळाचो समारोप

ता. 22 जानेवारी 2018
2 माघ 1939

दिव्यांग भुरग्यांच्या हिताखातीर सरकारचे यत्न चालू आसून तांच्या विकासाखातीर साबार येवजणो राबोवपात येता, अशें भलायकीमंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांणी दिवचलच्या केशव साधना संचलीत नारायण झांट्ये विशेश भुरग्यांच्या शाळेच्या खेळामेळाच्या समारोप कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हुण उलयतांना सांगले.

ह्यावेळार माचयेर आमदार श्री. राजेश पाटणेकर, संस्थेचे अध्यक्ष ॲड. खगेंद्र हेगडे देसाय, शाळेचे अध्यक्ष श्री. सागर शेट्ये, मुख्याध्यापिका श्रीमती संजना प्रभूदेसाय आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.

फुडें उलयताना श्री. राणे हांणी सरकार राज्यात शंभर नव्यो अंगणवाड्यो सूरू करपाचे आसून अशां अंगणवाड्यामदी णव लर्नींग मॉड्यूलर अंगणवाड्याचो आस्पाव आसा. ह्या अंगणवाड्यातल्यान भुरग्यांक दर्जेदार शिक्षण मेळटले, अशें सांगले.

सुरवेक श्री. सागर शेट्ये हांणी मानेस्तांक येवकार दिवन शाळेच्या कार्याची म्हायती दिली. रंजना साळगांवकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. श्री. राणे हांचे हस्तूकीं जैतवंत भूरग्यांक इनामां भेटयली.

सकाळी मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांचे हस्तूकीं खेळा बावटो हुबोवन खेळांमेळाचे उक्तावण जाले.